15th October 2026 8.40 am

## आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक

## मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज व्हिडियो परिशदेवरवीं, लद्दाखांतल्या सुमार साडे ३ हजार, कोटी मोलाच्या पांच उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करून, राष्ट्राक समर्पित करतले.

- केंद्रीय मंत्रीमंडळ बसकेंत, रेल्वे कर्मचाऱ्यांक 78 दिसांच्या पगाराच्या समतुल्य 'उत्पादन-संबंदीत बोनस' (पीएलबी) मंजूर केला.

- दादल्यांच्या क्रिकेटांत, काल रातीं हैदराबादांत जाल्ल्या, चवथ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय खेळांत, वेस्ट इंडीजान भारताक 24 धांवड्यांनी हारयले.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज, कोंकण आनी गोंयांत काय वाठारांनी आयज, उश्ण आनी दमट हवामान लेगीत आसतलें.

## आता पुराय खबरो

PM LADAKH PROJECTS - 180

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज व्हिडियो परिशदेवरवीं, लद्दाखांतल्या सुमार साडे तीन हजार, कोटी मोलाच्या पांच मुखेल उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करून, राष्ट्राक समर्पित करतले. ह्या वाठारांत जोडणी घटमूट करप, उर्जा मुळावी बांदावळ सुदारप, सांस्कृतीक दायज सांबाळप, उदकाची सुरक्षीतताय वाडोवप हो ह्या प्रकल्पांचो हेत आसा. तशेंच ह्या प्रसंगाचेर, प्रधानमंत्री मेळाव्यांक संबोधीत करतले. लेह हांगाच्या कुशोक बकुला रिंपोची विमानतळार 640 कोटी रुपया खर्चान बांदिल्ल्या, नव्या प्रवासी टर्मिनल इमारतीचें उक्तावण, प्रधानमंत्री करतले. 23 हजार 800 चौखण मिटर क्षेत्रफळ आशिल्लें, हें आधुनीक टर्मिनल वर्साक 35 लाख प्रवाशांक हाताळपा खातीर, तयार केल्लें आसा. शिमो रस्ते संघटणेन बांदिल्लो, निम्मू-पदुम-दर्चा रस्तो प्रधानमंत्री राष्ट्राक समर्पित करतले. झां-स्कर देगणांतल्यान लेहांतल्या निम्मूक, हिमाचल प्रदेशांतल्या दरचाकडेन जोडपी हो रस्तो, लद्दाखाक पर्यायी जोडणी मार्ग दिता आनी श्रीनगर-लेह आनी मनाली-लेह म्हामार्गांक, पूरक म्हूण काम करता. तशेंच 9 मेगावॅट, हानू ल्हान जलविद्युत प्रकल्प आनी डबल सर्किट ट्रांसमिशन लायनीचें उक्तावण, प्रधानमंत्री मोदी करतले. ह्या प्रकल्पांक लागून, वीजेची मुळावी बांदावळ घटमूट जातली आनी लद्दाखच्या वीज नेटवर्कची विस्वास पात्रताय वाडटली. प्रधानमंत्री मोदी लेहांतल्या सिंधू घाटांत, भारताच्या पयल्या 'पेट्रो-ग्लिफ संरक्षण उद्यानाचें' उक्तावण करतले, तशेंच 'प्रोजेक्ट हिम सरोवर' खाला 40 गांवांनी विकसीत केल्ल्या, 40 उदका स्रोतांचे उक्तावण करतले.

Union Cabinet Bonus - 100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या अध्यक्षते खाला जाल्ल्या, केंद्रीय मंत्रीमंडळ बसकेंत, 11 लाख 40 हजारां वयर रेल्वे कर्मचाऱ्यांक 78 दिसांच्या पगाराच्या समतुल्य ‘उत्पादन-संबंदीत बोनस’ (पीएलबी) मंजूर केला. सरकारान हो बोनस दिवपा खातीर 2 हजार 9 कोटी परस चड वितरित केल्यात. ह्या 78 दिसांच्या काळा खातीर पात्र कर्मचाऱ्याक दिवपाक जाय आशिल्ली चडांत चड बोनस रक्कम 17 हजार 951 आसा, अशे मंत्रीमंडळ बसके उपरांत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. हातूंत ‘गट सी’ रेल्वे कर्मचारी, जशे की ट्रॅक सांबाळपी, लोको पायलट, रेल्वे वेवस्थापक (गार्ड), स्टेशन मास्टर, सुपरवायझर, तंत्रज्ञ, पॉयंट-मन, आनी मंत्रालयीन कर्मचारी हांचो आस्पाव जाता.

Women Krushi Day - 60

भारतीय शेतकी मळार बायलांचें योगदान वळखुपा खातीर आयज नवी दिल्लींत, कृशी आनी शेतकार कल्याण खातें, राष्ट्रीय पांवड्यार, महिला किसान दिवस 2026 मनयतले. बायलां भारताचे शेतकी वेवस्थेचो, एक अभिन्न भाग आसा. पेरणी, रोवणी आनी कापणी सावन पशुधन वेवस्थापन, बियो संवर्धन, सैमीक संपत्ती वेवस्थापना मेरेन, बायलांनी जायत्यो म्हत्वाच्यो भुमिका निभायल्यात, अशें शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्रालयान सांगलां.

Ashwini Vaishnav - 80

केंद्रीय मंत्रीमंडळान, 53 हजार 428 कोटी रुपया खर्च करून, 2026-27 ते 2030-31 मेरेन पांच वर्सां खातीर, राष्ट्रीय समाजीक मजत कार्यावळ चालू दवरपाक मान्यताय दिल्या. नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्ले, केंद्रीय मंत्रीमंडळ बसके उपरांत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना, म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी ही म्हायती दिली. मंत्री वैष्णव हांणी सांगलें, कि अपंगत्व पेन्शन येवजणे खाला 79 वर्सां मेरेनच्या लावाथ्र्यांक, 375 रुपया आनी 80 वर्सां आनी ताचे परस चड पिरायेच्या लावाथ्र्यांक, 625 रुपया मजत जातली.

पीएम सेवा अभियान अटल इनोव्हेशन मिशन (AIM) - 170

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी जनसेवेतल्यान राष्ट्रसेवेचो मंत्र आणि अविरत कटिबद्धता सांबाळत, भौशिक सेवेची २५ वर्सा पूराय केल्यात. 'सेवा' आणि 'सुशासन' या दृष्टिकोनातल्यान प्रेरित जावन, सरकार २०४७ मेरेन 'विकसित भारत' हे उद्दिष्ट साध्य करपाक, अविरत प्रयत्नशील आसा. सर्वसमावेशक विकास आणि सामाजिक सक्षमीकरणाच्या माध्यमान, ही निष्ठा लोकांचे जीवन बदलता. आजच्या आमच्या विशेष मालिकेत 'अटल इनोव्हेशन मिशन (AIM)'च्या माध्यमातल्यान, ही दूरदृष्टी कशा तरेन कृतीत हाडली, हाचे एक उदाहरण, आम्ही तुमच्या मुखार मांडता. भारतांत नव-निर्मणेची व्याप्ती वाडोवपाखातीर 2016 वर्सा, नीती आयोगाखाला अटल

इनोव्हेशन मिशनाची, स्थापणूक जाली. शाळेंतल्या विद्यार्थ्यांक प्रत्यक्ष विज्ञानिक वावराचो अणभव, खुबुच कमी प्रमाणात मेळटालो. हया मिशनान दोन थर उबारले. अटल टिंकरिंग लॅबान शाळांनी थ्रीडी प्रिंटर, सेन्सर्स, रोबोटिक्स किटस आनी इलेक्ट्रॉनिक्स उपलब्ध करून दिले. अशा 10 हजार लॅब्सची स्थापणूक जाली, तातूंतले सुमार 60 टक्के सरकारी शाळांनी आनी अर्द्या परस चड गांवगिऱ्या वाठारांनी आसात. 72 अटल इनक्युबेशन केंद्रां, स्टार्टअपांक तांच्या सुरवातीच्या वाडी खातीर, आदार दितात. तांणी मेळून, हजारांनी उद्देगांक मजत केल्या आनी हजारांनी नोकऱ्यो निर्माण केल्यात. हया मिशनावरवी लाखांनी शाळेंतल्या भुरग्यां मेरेन, समस्या सोडोवपाची मानसिकताय पावली.

राजनाथ ASEAN - 60

शांत, स्थिर आनी उक्त्या भारत-पॅसिफिक वाठारांत, भारत आनी आशियाई हांचे हितसंबंद सामान्य आसात, हांचेर संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी भर दिला. नवी दिल्लींत जाल्ल्या आसियान-भारत संरक्षण थिंक टॅंक मंचात, उलयताना सिंग हांणी सांगलें, की आसियान भारताच्या, भारत-पॅसिफिक दृश्टीकोनाच्या मुळाक आसा आनी भारताचें Act - East धोरण हे आग्नेय आशिया वांगडा, समान भागीदार म्हूण काम करपाची एक वचनबद्धताय आसा.

Riyadh Airport - 110

रियाधांतल्या भारतीय दूतावासान सगळ्या भारतीय नागरिकांक, थळाव्या अधिकाऱ्यांच्या सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, हवाई हल्लो जाल्यार घरांतच रावप आनी साउदी अरेबियांतल्या सध्याच्या परिस्थिती कडेन, संबंदीत व्हिडियो वा खबरो प्रसारीत करपाचे टाळपाक सांगलां. 10 ऑक्टोबराक रियाद विमानतळार जाल्ल्या हल्ल्यांत, जखमी जाल्ले दोन भारतीय नागरिक आजूनूय अतिदक्षता विभागात आसात, अशें दूतावासान नव्या कळोवणेंत सांगलां. रियाधांतल्या किंग खालिद आंतरराष्ट्रीय विमानतळार, विमान येरादारी स्थगीत आसा. भारतीय विमान कंपन्यांनी साउदी अरेबियाक वचपी आनी येवपी विमान सेवा, हया म्हयन्याचे 17 तारखे मेरेन बंद केल्यात.

Piyush USA - 60

फाटल्या चार वर्सांत भारतान, 38 विकसीत देशां कडेन 'प्राधान्य वेपार कबलात' केल्या, अशें वाणिज्य मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलां. नवी दिल्लींत जाल्ल्या 'ब्लूम-बर्ग न्यू इकोनॉमी फोरमात उलयतना गोयल हाणी म्हणले की, जागतिक भागीदारांखातीर देशाची बाजारपेठ उक्ती करतानाच, भारतीय उद्योगांखातीर बाजारपेठेतल्या संधींचो विस्तार करपाचे भारताचे उद्दिष्ट आसा. भारत विश्वासाई भागीदारी सोदता हाचेर मंत्री गोयल हाणी भर दिलो.

पीएम आशियाई खेळ - 50

नवी दिल्लींत जाल्ल्या, आशियाई खेळां सर्तींत वांटो घेतिल्ल्या, भारतीय पंगडा कडेन, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज  संवाद सादतले. प्रधानमंत्री ह्या निमतान, मेळाव्याक संबोधित करतले.

क्रिकेट - 60

दादल्यांच्या क्रिकेटांत काल रातीं हैदराबादांत जाल्ल्या, चवथ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय खेळांत, वेस्ट इंडीजान भारताक 24 धांवड्यांनी हारयले. वेस्ट इंडीजान थारायिल्ल्या 248 धांवड्यांच्या लक्ष्याचो फाटलाव करताना, भारतान 19 पूज्य 3 शटकात, 9 गडे वगडायत 223 धांवड्यो केल्यो. पांच मॅचींची मालिका आतां 2 आड 2 अशी बरोबरीचेर आसा. पाचवो खेळ शेनवारा बेंगळुरूत जातलो.

हवामान - 80

भारतीय हवामान खात्यान आयज हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, दिल्ली, केरळम, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल वाठारांत घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन, orange  अलर्ट जारी केला. हवामान खात्यान फुडले दोन ते तीन दीस छत्तीसगढ, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, ओडिशा, राजस्थान, तेलंगणा आनी अस्तंत मध्य प्रदेशात वीज आनी वादळी वारें वांगडा गडगड मारपाचो अदमास उक्तायला. शेनवार मेरेन मध्य महाराष्ट्र, कोंकण, गोंय, दर्यादेगेवेल्या कर्नाटक वाठारांत  अशीच परिस्थिती उरतली. मजगतीं, दर्यादेगेवेलो कर्नाटक, कोंकण आनी गोंयांत काय वाठारांनी आयज, उश्ण आनी दमट हवामान आसतलें.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज व्हिडियो परिशदेवरवीं, लद्दाखांतल्या सुमार साडे ३ हजार, कोटी मोलाच्या पांच उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करून, राष्ट्राक समर्पित करतले.

- केंद्रीय मंत्रीमंडळ बसकेंत, रेल्वे कर्मचाऱ्यांक 78 दिसांच्या पगाराच्या समतुल्य ‘उत्पादन-संबंदीत बोनस’ (पीएलबी) मंजूर केला.

- दादल्यांच्या क्रिकेटांत, काल रातीं हैदराबादांत जाल्ल्या, चवथ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय खेळांत, वेस्ट इंडीजान भारताक 24 धांवड्यांनी हारयले.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज, कोंकण आनी गोंयांत काय वाठारांनी आयज, उश्ण आनी दमट हवामान लेगीत आसतलें.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय  खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले,  आयज सांजे ६ वरा जावन ३० मिनटांचेर. नमस्कार!